## राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसानिमतान परबीं

ता. 18 डिसेंबर 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसानिमतान परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गोंय मुक्ती दिसाच्या ह्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता. आयज, गोंय मुक्ती दिसाच्या ह्या इतिहासीक प्रसंगार म्हाका जाहीर करपाक खोस जाता, की गोंयचे राजभवन हे गोंयचे "लोकभवन" म्हूण वळखुपात येतले. हो बदल परकीय युगाच्या परिभाषेच्या फुडलें कल्पक आनी विचारपुर्वक पावल आसा आनी आमच्या लोकशाय प्रजासत्ताक मुल्यांनी रूजलेल्या शास्त्रीय परिभाषे कडेन आमची वचनबद्दताय मजबूत करता. "लोकभवन" म्हळ्यार लोकांचे घर, जे पारदर्शकता, समावेशकताय आनी गोंयच्या नागरिकांच्या सेवेतल्या आमच्या स्थिर समर्पणाचे प्रतिक जावन आसा. लोकभवन हे लोकसेवेच्या वचनबद्दतेचे प्रतिनिधित्व करता, ज्या संस्थेविशीं प्रत्येक नागरिकाच्या मनात आपलेपणाची भावना आसा. ते न्हय फकत एक प्रशासकीय अधिकारिणीची सुवात, जाल्यार ते प्रत्येक गोंयकाराची अपेक्षां, आस्त आनी विस्वासाची सुवात आसा. लोकभवन खरेंपणी लोकांखातीर, लोकांबरोबर आनी लोकांच्या सेवे खातीर काम करतले.

19 डिसेंबर 1961 हो गोंयच्या इतिहासातलो चड म्हत्वाचो दीस, ह्या कीर्तवंत दिसा गोंय पोर्तुगीज सत्तेच्या बंधनातल्यान मुक्त जाले आनी भारताचो अंतर्गत भाग जालो. होच तो दीस ज्या दिसा आमी आमच्या दीर्घ आनी कठीण स्वातंत्र्य चळवळीच्या काळात केल्ल्या अगणीत त्यागाचो गंभीरतायेन उगडास करून नमन करतात. हो दीस आमकां स्वातंत्र्यतायेच्या काळातली एकजूट, धाडस आनी त्यागाचे संस्मरण करून दिता. हो दीस आमकां गोंयचो समृध्द वारसो आनी गोंयाक सक्षम आनी प्रगतिशील राज्य करपाच्या दिकेन केल्ल्या उल्लेखनीय वाटचालीचोय उगडास करून दिता.

जशें आमकां सगळ्यांक खबर आसा, की गोंय 450 वर्सां परकीय सत्तेखाला उरले. ह्या दीर्घ आनी कठीण काळात गोंयच्या पिळग्यांनी सांस्कृतीक, सामाजीक आनी राजकीय आव्हानांक फुडो केलो. भुंय जरी सोबीत आसली तरी गोंयचे लोक स्वायत्तताय आनी अभिमाना बगर जीण जगले, जो प्रत्येक मनशाचो जल्महक्क आसा. जुलूमशायेच्या ह्या दीर्घ काळाच्या दबावाखाला गोंयच्या कांय लोकांनी निर्धारपुर्वक धाडसान बंड करपाक सुरूवात केली.

सुरूवातीच्या काळात जाल्ल्या प्रतिकार बंडांचो आमी आदरान उगडास करतात. असंख्य स्वातंत्र्य सैनिकांनी जुलूमशायेच्या दबावाखाला लेगीत आपले धाडस दाखयले. तांचो त्याग आनी निर्धारातल्यान स्वायत्ततायेची पयली बियां रूजली आनी ह्या आंकराक जाय तशी पोसवण मेळून ताचे व्हड रूखात वाड जावन स्वातंत्रतायेत रूपांतर जाले, जो दीस आमी आयज मनयतात.

1961 वर्सा इतिहासीक "ऑपरेशन विजय" ही भारतीय सैन्य दळान केल्ली कारवाय गोंय मुक्तीचें निमाणे मोडण थारले. जेन्ना सगळें राजनैतिक मार्ग सोपले आनी मुक्ती खातीरची मागणी राष्ट्राचो आवाज जालो, तेन्ना गोंय, दमण आनी दीव प्रदेशाक परकीय

सत्तेतल्यान मुक्त करपा खातीर भारतीय सैन्य दळां- आमचे धाडसी लश्कर, नौदळ आनी हवाई दळान शीघ्र आनी निर्णायक कारवाय केली. “ऑपरेशन विजय” ही न्हय फकत लश्कराची कारवाय आशिल्ली. 1947 वर्सा उर्वरीत भारतान जे मेळयले तेच स्वातंत्र्य गोंयच्या लोकांक फावो आशिल्लें आनी ताची ही हमी आशिल्ली. “ऑपरेशन विजय” फकत 36 वरांनी सोपले, पुण त्या वरांच्या परिणामान ह्या भुयेंच्या नशीबाक सासणाखातीर आकार दिलो. पणजी शाराचेर भारतीय तिरंगो हुबोवन न्हय फकत परकीय सत्तेचो शेवट जालो, जाल्यार नव्या युगाची सुरूवात जाली, ज्या युगात गोंयकार सक्षम आनी सार्वभौम भारताचो अंतर्गत भाग म्हूण आपली वळख, आपली संस्कृती आनी आपल्या फुडाराचो विचार करपाक शकता.

गोंय मुक्ती दीस म्हळ्यार न्हय फकत आमच्या भुतकाळाचो उगडास करप, जाल्यार आमी केल्ल्या प्रगतीचो नियाळ घेवन खुशालकाय मनोवपाचो हो दीस आसा. दशकांसावन गोंय हे सलोखो, शिक्षण, सांस्कृतीक समृध्दी आनी शाश्वत विकासाचे आदर्श राज्य जाल्ले आसा.

ह्या वर्सा, गोंयांन तोखणाय करपा सारखी उदरगत करून आमच्या लोकांच्यो अपेक्षां पुर्ण केल्यात. ह्या वर्सा गोंयांन 100 टक्के साक्षरतायेचो टप्पो गाठून देशांतल्या कांय पुर्ण साक्षर राज्यांमदले एक राज्य जाला. आमच्या सशक्तिकरणाच्या वाटचालीचे हे एक म्हत्वाचे पावल आसा. हातूंतल्यान न्हय फकत आमची वाचपाची आनी बरोवपाची क्षमताय दिसून येता, जाल्यार गोंयकारा खातीर मानवी कुशळटाय, श्रम आनी संदीचो मार्ग उकतो जाता.

पर्यटन हे गोंयच्या विकासाचे एक म्हत्वाचे क्षेत्र. 2025 वर्सात गोंयांत येवपी देशी तशेंच विदेशी पर्यटकांच्या संख्येत म्हत्वाची वाड जाल्ली आसा. चड म्हत्वाचे म्हळ्यार आमी पर्यटन मळार शाश्वत आनी समावेशक विकास करपाचेर भर दिल्लो आसा. गोंयांत बीच पर्यटनाच्या फुडें वचून दायज पर्यटन, हिंटरलॅण्ड पर्यटन, ईको-पर्यटन, ग्रामीण पर्यटन आनी व्हेलनेस पर्यटनाच्या विकासाक प्रोत्साहन दिता. पर्वरी टावन स्कुअर, सांस्कृतीक आनी सैमिक थळांचो विकास करून अदीक लोककेंद्रीत आनी पर्यावरण सुरक्षीत पर्यटनाचेर भर दिल्ल्याचे दिसून येता.

हरित उर्जा निर्माण, उर्जा-सक्षमताय वाड आनी फुडारात हवामान बदलाच्या परिणामांक तोंड दिवपा खातीर नितळ उर्जा रोडमॅप 2025 चालीक लावन गोंयान एक इतिहासीक पावल मारला. ह्या प्रकल्पा खाला नविनीकरणीय उर्जा वापर, राज्यभर सोलर रूफटॉप प्रकल्पांनी वाड करप, उर्जा-सकारात्मक गांव, हरित रांदपा कार्यक्रम आनी भलायकी केंद्रां आनी सुविधांक सोलर उर्जा प्रकल्प बसोवपाचेर भर आसा. विकासाच्या मार्गार फुडें वतना गोंयचे सोबीत पर्यावरण, आमच्यो न्हंयों, दोंगर, रांना आनी दर्यादेगांचो सांबाळ करपाची आमची जापसालदारकी ह्या प्रयत्नांतल्यान दिसून येता.

हालीच्या वर्सांनी गोंयान खेळां मळारय तोखणायेची उदरगत केल्या. गोंयच्या युवा खेळगड्यांनी फुटबॉल, पेंवप, एथलेटिक, मार्शल आर्ट आनी हेर साबार खेळां प्रकारांनी उत्कृश्ट खेळाचें प्रदर्शन करून पदकां आनी नामनां मेळोवन गोंयचो अभिमान वाडयला. तांणी खेळां सर्तींनी मेळयिल्लें हे जैत गोंयांत नेटान वाडपी खेळ भावनेचे पर्जळीत उदाहरण जावन आसा.

आमी हो दीस मनयता आसतना, गोंय मुक्ती चळवळीक योगदान दिल्ल्या प्रत्येक धाडसी आनी पराक्रमी ज्ञात-अज्ञात आत्म्यांक आमी आदरान नमन करूया.

अचूकपणान आनी शुरतायेन “ऑपरेशन विजय” कारवाय केल्ल्या आमच्या धाडसी आनी पराक्रमी सैनिकांक आमी सलाम करूया. आनी चड म्हत्वाचे म्हळ्यार आमच्या राष्ट्राची व्याख्या करपी न्याय, एकता आनी विकासाच्या तत्वांविशींची आमची समर्पित भावना मजबूत करूया.

आयच्या ह्या म्हत्वाच्या दिसा, आमच्या स्वातंत्र्या खातीर झुजलेल्या आनी त्याग केल्ल्या म्हान आत्म्यांच्या उगडासाक नमन करतना, हांव गोंयच्या लोकांक आमचे राज्य आनी देशाची भरभराट, मजबूत आनी पर्जळीत फुडाराखातीर पुर्नसमर्पित जावपाचो उलो मारता, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/964

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.